**<u>केंद्रीय म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या जोड सचिवा वांगडा मुख्यमंत्र्यांची बसका</u>**

ता. 24 डिसेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयाचे जोड सचिव श्री. सौरभ गौर हांच्या वांगडा बसका घेवन राज्यांत बरे गुंतवणूकदार आनी कंपन्यांक आकर्शीत करपा बाबतीत चर्चा केली.

श्री. गौर हांणी पावर पॉईंट सादरीकरणा वरवीं मुख्यमंत्र्यांक भारत सरकाराचो गुंतवणूक कार्यक्रम, वेगवेगळी धोरणां आनी केंद्र सरकारा वतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती करून दिली.

महसुल सचिव श्री. संजय कुमार, म्हायती तंत्रज्ञान खात्याच्यो संचालक अंकीता आनंद, गोंय इन्फोटॅक महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. विवेक एच. पी., श्री. नितीन कुंकळ्येकर, मनोज पाटील, दत्तप्रसाद शेटकर बसकेक हजर आशिल्ले.

श्री. गौर हांणी उत्पादन संबंदीत सुविधा येवजण, इलेक्ट्रॉनिक कम्पोनंट निमर्ती प्रोत्साहन येवजण, सेमीकंडक्टर्स निर्मिती येवजण अशां वेगवेगळ्या येवजणांची म्हायती दिवन गोंय सरकारान अशां येवजणांचो लाव घेवपाक सांगले.

गोंयांत गुंतवणुक करपाक बरे उद्देग आनी कंपन्यांक आकर्शीत करपा खातीर सरकार खास येवजण तयार करपाच्या दृश्टीन पावलां उखलतले म्हणपाचे, मुख्यमंत्र्यान सांगले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/767

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji